# माहिती खात्याच्या छायाचित्र सर्तीखातीर मुदत वाड

ता. 6 ऑक्टोबर 2017
15 कार्तिक 1939

गोंय सरकाराच्या माहिती आनी प्रसिध्दी खात्यान आयोजित केल्ल्या छायाचित्र सर्तीखातीर प्रवेशिका सूपूर्द करपाची मुदत 10 नोव्हेंबर 2017 मेरेन वाडयल्या. ही सर्त दोन वर्गानी घेतले. पयल्या वर्गाचो विशय गोंयचे आर्किटेक्चर/अनडिसकवर्ड गोवा आनी दुसऱ्या वर्गाचो विशय गोंयचो साधन सुविधा विकास (गोंयात जाल्लो विकास) असो आसा. छायाचित्रकारानी आपल्या छायाचित्राच्या फाटल्यावटेन आपले नाव, नागरीकत्व, पोस्टाचो नामो, मोबायल नंबर, ई-मेल आनी छायाचित्रा विशी तांत्रिक माहिती बरोवन धाडची. मोबायलाचेर काडलेली छायाचित्रा स्वीकारचे नात. तशेंच प्रवेशिकेत छायाचित्रा मुळ स्वरूपाची आनी स्वता काडिल्ल्याचे प्रमाणपत्र जोडचे. तशेंच सॉफ्ट कॉपीय जोडची.

प्रत्येक वर्गाखातीर 8 ̧12 इंच आकाराची चडात चड चार छायाचित्रा धाडपाक शकतात. हे सर्तीखातीर प्रवेश शुल्क, पिराय वा पात्रतेची अट ना. गोंयात 15 वर्सां राबीतो करप्याक प्राधान्य आसतले आनी त्याखातीर राबीतो दाखलो सुपूर्द करपाक जाय.

सर्तीच्या प्रत्येक वर्गाखातीर रू. 25,000/- पयले, रू. 20,000/- दुसरे आनी रू. 15,000/- तीसरे इनाम आयतले. तशेंच पाच उमेद वाडोवपी इनामा आसतली.

सर्तीखातीर प्रवेशिका म्हुण येवपी छायाचित्रांचो वापर सरकारी प्रदर्शन आनी हेर प्रकाशनाखातीर वापरतले. प्रवेशिका संचालक, माहिती आनी प्रसिध्दी खाते, उद्योगभवन पणजी हांगा सूपूर्द करच्यो. उसराआयिल्ल्यो प्रवेशिका स्वीकारचे नात. सर्तीच्या जैतवंताक 16 नोव्हेंबराक राष्ट्रीय पत्रकारीता दिस कार्यक्रमात इनामां भेटयतले.